Panaji

National News

11th September 2026 6.30pm

फाल्यां सुरू जावपी अठराव्या ब्रिक्स शिखर सभे खातीर संवसारभरांतले फुडारी नवी दिल्लींत ऐकताय येतात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. जागतिक कल्याणाचे उद्दिष्ट समोर दवरून हे परिशदेंत वेगवेगळ्या विशयांचेर सकारात्मक आनी अर्थपूर्ण चर्चा जातली असो विस्वास मोदीं हांणी आयज एका सोशल मीडिया पोस्टवरवीं उक्तायलो.
१८ वी ब्रिक्स शिखर परिषद फाल्या नवी दिल्लीत भारत मंडपमात सुरू जातली.

खोल सहकार्य आनी घटमूट भागीदारी वरवीं शाश्वततेक चालना दिवपाच्या गरजेबरोबरच, दरेका देशाच्या अर्थीक रणनितींत लवचीकताय केंद्रबिंदू जाल्या अशें विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकरान सांगलां. फाल्यां सावन सुरू जावपी ब्रिकस फुडाऱ्यांचें शिखर परिषदेच्या पयलीं आयज सकाळीं नवी दिल्लींत जाल्ल्या ब्रिकस वेवसाय मंचात डॉ. जयशंकर उलयताले. ब्रिक्सखातीर हे वर्ष एक म्हत्वाचो वाटचिरो आसा, कारण हो गट संस्थात्मक सहकार्याची २० वर्सां पुराय करतात अशें तांणी म्हळें.
मंचाच्या उक्तावण सत्रांत उलयतना वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयलान ब्रिकस राष्ट्रांक आपल्या अर्थीक शक्तीचे रूपांतर आपल्या लोकां खातीर रोजगार, संपत्ती आनी समृद्धींत करपा खातीर एकठांय काम करपाचें आवाहन केलें.

ब्रिक्स देशांचे अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँकेचे गव्हर्नर हांणी टॅरिफ आनी बिगर-टॅरिफ अडथळयांसयत एकतर्फी व्यापार आनी आर्थिक उपाय लागू करपाबाबत गंभीर हुस्को उक्तायला. ह्या उपायांक लागून व्यापाराचेर परिणाम जाता आनी ते संवसारीक वेपार संघटनेच्या (WTO) नेमां कडेन विसंगत आसात अशें तांणी सांगलें. ब्रिक्स देशांनी WTOक केंद्रस्थानी दवरून उक्त्या, पारदर्शक आनी नेमांचेर आदारीत बहुपक्षीय व्यापार वेवस्थेक परत एक फावट आपलो तेंको उक्तायलो. काल मुंबयंत भारताच्या ब्रिकस अध्यक्षते खाला जाल्ल्या ब्रिकस अर्थमंत्री आनी केंद्रीय बँकेचे गव्हर्नरांची निमणी बसका सोंपल्या उपरांत जारी केल्ल्या संयुक्त निवेदनात ह्या गटाचे वांगडी देशांनी ही म्हायती दिली.

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितिन गड़करीन आयज मुंबयंत FASTag पोर्टेबिलिटी खातीर 'वन टॅग सुविधा सुरू केली. हाका लागून वाहन मालकांक Rajmarg Yatra app वरवीं आपले सद्याचे FASTag नव्या बँक खात्या कडेन जोडपाक मेळटा. ह्या सुविधे वरवीं वाहनचालकांक आतां आपलें बँक खातें बदलतना आपलो सद्याचो FASTag स्टिकर काडून उडोवपाची वा बदलपाची गरज पडची ना. फकत नव्या खात्याक जोडून तेच FASTag वापरप ते चालू दवरूंक शकतात. अर्थीक वर्साच्या अखेर मेरेन टोल प्लाझ्यांचेर प्रतीक्षा वेळ 10 सेकंदां परस उणो करप हें सरकाराचें ध्येय आसा अशें गड़करी हाणी ह्या वेळार उलयतना सांगले सांगलें.

बँकर्स बुक्स एव्हिडन्स **ॲ**क्ट, 2026 1 ऑक्टोबर सावन लागू जातलो. 13 ऑगस्टाक राष्ट्रपतीची संमती मेळिल्लो हो कायदो बँकर्स बुक्स एविडेंस **ॲ**क्ट, 1891 च्या जाग्यार येतलो.

चीनांत सुरु आशिल्ल्या ज्युनियर आशिया कप हॉकींत आयज पयल्या semi-finalत भारतीय ज्युनियर दादल्यांच्या पंगडान मलेशियाचेर 3-1 अशे जैत मेळोवन फायनलींत सुवात मेळयली. भारतीय ज्युनियर बायलांचो पंगड फाल्यां सेमी फायनलींत दक्षिण कोरिया आड खेळटलो.

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज छत्तीसगड, आंध्र प्रदेशाचो दर्यादिगे आनी ओडिशांत खूब मुसळधार पावस पडटलो अशी ऑरेंज अलर्ट जारी केल्या